Panaji Regional 13th April 2026 7.25am

CM – 70

आंबेशी सरकारी मुळावी शाळा,प्राथमिक शिक्षणातल्या आपल्या ६० वर्षांच्या योगदानाचे औचित्य साधून, आज शाळेच्या आवारांत आपलो हिरक महोत्सव मनयतली. हो कार्यक्रम 'नवदिशा संस्था आंबेसी-पाळी' आनी गोंय सरकारच्या 'कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या' जोड पालवान आयोजीत केला. गोंयचे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत ह्या सुवाळ्याक मुखेल सोयरे म्हणून हाजीर रावतले. ह्या वेळार शिक्षण खात्याचे अधिकारी, थळावे प्रतिनिधी, आदले विद्यार्थी आनी ग्रामस्थ एकठांय येतले अशी आसत आसा. दिसभर चलपी ह्या कार्यक्रमांत विद्यार्थ्यांच्या सृजनशीलतेक आनी सर्वांगीण उदरगतीक प्रोत्साहन दिवपी वेगवेगळे उपक्रम जातले.

Shirgao – 160

शिरगांव हांगा लयराय जात्रेच्या पयले दिसा 21 एप्रिलाक फकत 34 दुकाना/स्टॉलाक मान्यताय दितले. 21 तारखे उपरांत दुकानांचो आंकडो वाडटलो मात तो मर्यादित आसतलो. धोंड तशेंच हेर लोकांच्या सुरक्षा वेवस्थेचो विचार करून प्रशासनान हो निर्णय घेतला. उत्तर गोंय जिल्होधिकारी अंकित यादव हांणी ही म्हायती दिली.
शिरगांव लयराय देवीची जात्रा अंदू 21 एप्रिलाक जातली. फाटले वर्सा जात्रे दिसा खेटा खेटी जावन 6 जाणांक मरण आयिल्ले जाल्यार 70 परस चड भाविक जखमी जाल्ले. शिरगांवच्या वर्सुकी जात्रेक व्हडा प्रमाणांत गर्दी जाता. फाटले वर्सा प्रमाण खेटाखेटी सारको प्रकार जावचो न्हय म्हूण अंदू सरकार तशेंच प्रशासनान उपाययेवजण्यो घेतल्या. रस्ते रुंद करपा सयत येरादारी तशेंच पार्किंगा खातीर खासा वेवस्था केल्या. पयले दिसा 21 तारखेक देवळा फाटल्यान आशिल्ल्या मैदानाचेर 15 दुकाना आसतली. हेर रस्त्यांचेर 10 जाल्यार तळी कुशीक 9 दुकाना आसतली. जात्रेच्या दुसऱ्या दिसा उपरांत गर्दी उणी जाता. हाका लागून 22 तारखे सावन चड दुकाना आसतली मात निर्बंध आसतलेच.

गर्दीचेर नियंत्रण दवरपा सयत सुरक्षेचो नियाळ घेवपा खातीर 30 परस चड सुवातांचेर सीसीटीव्ही कॅमेऱ्यांची वेवस्था केल्या.

सुण्यांखातीरची आसरोघरां - 80

राज्य सरकारान दरेका जिल्ह्यात एक, अशी सुण्यांखातीरची तीन आसरोघरां स्थापन करपाचे थारायलां. चावो घेतात ते वा आक्रमक जाल्ल्या हेडपी सूण्यांक धरपाखातीर

२० जाणाक नेमपाचोय निर्णय सारकारान घेतला. मनशाक चाबपी खंयच्याय भटक्या सुण्याक मूळ सुवातेर सोडचे पयलीं ताची आक्रमकता उणी करपाखातीर 15 दीस सुण्यांक आसरोघरांत दवरतले. फाटल्या वर्सा गोंयांत सुण्यांनी चावो घेतील्ले दुर्येती 19,368 जाल्यार होच आंकडो 2024 वर्सा 17,323 इतलो आशिल्लो जाल्यार फकत साष्ट तालुक्यात हो आंकडो सगळ्यात चड म्हळयार 5,252 दुर्येती इतलो आसा. जे सगळ्या तालुक्यां परस चड आसा.

पुरवणी परीक्षेचे वेळापत्रक - 50

गॉय शालांत मंडळान एप्रिल २०२६ बारावेच्या पुरवणी परीक्षेचे वेळापत्रक जाहीर केला. प्रायोगिक परीक्षा २४ एप्रिल २०२६ सावन जाल्यार लेखी परीक्षा २७ एप्रिल २०२६ सुरु जातल्यो. ऑनलायन अर्ज सादर करपा खातीर वेब पोर्टल www.gbshse.in १३ एप्रिल ते २१ एप्रिल २०२६ मेरेन उक्तें आसतलें. ही परिक्षा गोंयच्या दोन मुखेल केंद्रांनी जातली.

आशा भोसले - 60

नामनेच्यो गायिका आशा भोसले हांचेर आयज सांजे ४क मुंबयच्या शिवाजी पार्कात पुराय सरकारी इतमामान निमणे संस्कार जातले. काल मुंबयच्या एका हॉस्पिटलात ९२ व्या वर्सा तांणी निमणो स्वास घेतलो. शेनवारा सांजे एका खासगी हॉस्पिटलात तांका उपचाराखातीर दाखल केल्ली. आशा भोसले हांका पद्मविभूषण आनी महाराष्ट्र भूषण पुरस्कार फावो जाल्ले. आयज सकाळी ११ वरांचेर लोअर परेलातल्या कासा ग्रांडे ह्या तांच्या निवासस्थानार लोकांक तांचे अंत्यदर्शन घेवपाक मेळटलें.

Weather – 50

शेनवारा पणजेचें चडांत चड तापमान 33.6अंश आनी उण्यांत उणें तापमान 25.2 अंश नोंद जालें. मुरगांवांत चडांत चड तापमान 33 अंश आनी उण्यांत उणें 25.2 अंश उरलें.

राज्यांत आज चडांत चड तापमान ३४ ते ३५ अंश आनी उण्यांत उणें तापमान २४ ते २५ अंश सेल्सियस आसपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायला.

IPL – 55

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत, काल सांजवेळा लखनऊत  जाल्ल्या खेळांत गुजरात टायटन्सान लखनऊ सुपर जायंट्सचेर सात विकेटींनी जैत मेळयलें. काल रातीं मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमाचेर जाल्ले लीग स्टेज मॅचींत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून मुंबय इंडियन्साक 18 धांवड्यांनी हारयलो. आयज  हैदराबादच्या राजीव गांधी आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमाचेर सनरायझर्स हैदराबाद  राजस्थान रॉयल्स आड  खेळटलो. सांजवेळा 7:30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.